देवश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  १४.०१.२०२६ @ ८.४० AM

नमस्कार आकाशवाणी पणजी

- राष्ट्रकुलाच्या सभापती आनी पीठासीन अधिकाऱ्यांची २८वी परिषद (CSPOC) आज नवी दिल्लीत सुरू जाता
- फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे राजनयिक सल्लागार इमान्युएल बोन हांणी काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीची भेट घेतली
- आयज कापणीचो उत्सव म्हळ्यार मकर संक्रांती देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी मनयतात
- बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत काल रातीं मुंबय इंडियन्सान गुजरात जायंटस हांकां सात विकेटींनी हारयले

CSPOC

राष्ट्रकुलाच्या सभापती आनी पीठासीन अधिकाऱ्यांची २८वी परिषद (CSPOC) आज नवी दिल्लीत सुरू जाता. तीन दिसांच्या हे परिशदेंत साठा/वयर राष्ट्रकुल आनी अर्द स्वायत्त संस/दांचे सभापती आणि पीठासीन अधिकारी एकठांय येतले. संसदीय लोकशायेच्या वेगवेगळ्या प्रकारांचें गिन्यान आनी समज वाडोवप आनी संसदीय संस्थांचो विकास करप हो हे परिशदेचो हेत आसा. लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हे परिशदेचे अध्यक्ष आसात. पयल्या दिसा स्थायी समितीची बसका जातली. 28व्या CSPOC चे अध्यक्ष म्हूण बिर्ला CSPOC स्थायी समितीचे बसकेचे अध्यक्षस्थानार आसतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां संविधान सदनाच्या इतिहासीक सेंट्रल हॉलांत परिशदेचें उक्तावण करतले. तशेंच मोदी राष्ट्रकुल आनी स्वायत्त संसदेचे सभापती आनी पीठासीन अधिकाऱ्यांकडे  अनौपचारीक संवाद सादतले.

**इमान्युएल**

**फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे राजनयिक सल्लागार इमान्युएल बोन हांणी काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी HANCHI भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, कि खूपशा क्षेत्रांतल्या घट्ट सहकार्यान वैशिष्ट्यपूर्ण भारत आनी फ्रांस हांचे मदल्या घटमूट आनी विश्वासार्ह धोरणात्मक भागीदारी, ताची परत पुष्टी केल्या. आतां हो सहकार नवनिर्माण, तंत्रगिन्यान आनी शिक्षणाच्या मळार वाडटा तें पळोवन आपूण खोशी आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, खास करून आमी 'भारत-फ्रांस नवनिर्माण वर्स' मनयतात. तशेंच मोदी आनी बोन हांणी म्हत्वाच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारांचे आदान-प्रदान केले .**

**मकर संक्रांती**

**आयज कापणीचो उत्सव म्हळयार मकर संक्रांती देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी मनयतात. मकर संक्रांती शिंयाळी हंगाम सोंपपाची आनी दीस लांब जावपाची सुरुवातीची सूचक आसा . देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी ह्या उत्सवाक वेगवेगळ्या नांवांनी वळ/खतात. तमिळनाडूंत पोंगळ, गुजरातांत उत्तरायण, आसामांत भोगली बिहू आनी अस्तंत बंगालांत पौष संक्रांती अशा नावान ही परब मनयतात.**

**द्विवेदी**

**जम्मू आणि काश्मीरातल्या शक्स/गाम देंगणा/बाबत चीन आणि पाकिस्तानमदी एकोनिषेत्रेसष्टत जाल्ली कबलात बेकायदेशीर आशिल्याचे लष्करप्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी यांनी सांगले. लष्करप्रमुखांनी देंगणाच्या भू/भागार भारताची भूमिका परत मांडली. चीनच्या परराष्ट्र मंत्रालयाच्या प्रवक्त्यांनी शक्स/गाम देंगणाचेर केल्या टिप्पणीचेर माध्यमांच्या प्रश्नाक जाप दितना जनरल द्विवेदी यांनी हे सांगले. जनरल द्विवेदी हाणी म्हणाले की, भारताक, देंगणात कसल्योच हालचाली मान्य**

ना. लष्करप्रमुखांनी सांगले की, चीन वांगडा प्रत्यक्ष नियंत्रण रेशा (lac) वेली परिस्थिती स्थिर आसा पुण त्या खातीर सतत सतर्क रावपाची आवश्यकता आसा. ऑपरेशन सिंदूर हे कृती आणि प्रतिसाद दिवपाच्या स्वातंत्र्यासयत त्रि-सेवा सहकार्याचे सर्वोत्तम उदाहरण आसा अशे सांगुन ताणी म्हणाले की, ऑपरेशन सुरूच आसा आणि शत्रूच्या खंयच्याच चुकीच्या कृतीक प्रभावीपणान फुड़ो करतले. पहलगाम दहशतवादी हल्ल्या उपरांत निर्णायक/पणान प्रत्युत्तर दिवपाचो स्पष्ट निर्णय उच्च पातळीर घेतलो. ऑपरेशन सिंदूरात भारतीय सैन्यान नऊपैकी सात लक्ष्यां यशस्वीरित्या नष्ट केली आणि पाकिस्तानच्या कृतींक योग्य प्रत्युत्तर दिवपाक महत्त्वाची भूमिका निभायली अशे ताणी म्हणले

जयशंकर

भारत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या मार्गदर्शनान प्रेरित जावुन 'मानवता पयली' आणि 'लोक-केंद्रित' दृष्टिकोनान ब्रिक्स अध्यक्षपदाकडे वता अशे परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर यांनी म्हणले.भारताची अध्यक्षपदाची थीम - "लवचिकता, नवोपक्रम, सहकार्य आणि शाश्वततेखातीर उभारणी" - ही ब्रिक्स सदस्यांमदल्या सहकार्याक लागुन सामायिक आव्हानांक संतुलित आणि समावेशक पद्धतीन फुडो करपाक मदत जावंक शकता, या विश्वासाचे प्रतिबिंबित करता. ब्रिक्स शिखर परिषदे खातीर लोगो, थीम आणि वेबसाइटचे लाँच करताना जयशंकर हांणी म्हणले की, ही थीम क्षमता मजबूत करप, नवोपक्रमाक प्रोत्साहन दिवप आणि सगळयांच्या हिता खातीर शाश्वत विकास सुनिश्चित करपाचे महत्त्व अधोरेखित करता. फाटल्या काय वर्षांत, ब्रिक्सन आपलो अजेंडा आणि सद/स्यत्व वाढयला. बदलत्या जागतिक वास्तवांक प्रतिसाद दित लोक-केंद्रित विकासार, संवादाक चालना दिवपाचेर आणि व्यावहारिक सहकार्याक प्रोत्साहन दिवपाचेर लक्ष केंद्रित केला अशे ताणी म्हणले. सध्याचे जागतिक वातावरण जटिल आणि परस्पर जोडलेली आव्हानां दिता. या संदर्भात, ब्रिक्स ही एक महत्त्वाची माची आसा जी राष्ट्रीय प्राधान्यक्रम आणि

विकासाच्या विविध टप्प्यांचो विचार करून संवाद, सहकार्य आणि व्यावहारिक प्रतिसादांक प्रोत्साहन दिता अशे ताणी म्हणले

हयो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात

आता मुखावेलयो खबरो

राजनाथ

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज नवी दिल्लींत जावपी धाव्या सशस्त्र दळाच्या माजी सैनिक दिसा निमित्त आयोजित कार्यक्रमा खातीर हाजीर रावपाचे आसात. भारतीय सैन्याचे  पयले मुखेल सेनापती फिल्ड मार्शल के.एम. करिअप्पा हांच्या कार्याचो आणि सेवेचो सन्मान करपाक दरवर्सा १४ जानेवारीक  सशस्त्र सेना माजी सैनिक दिस मनयतात . एकोनिषेत्रेपपन वर्सा ह्याच दिसा ते सेवानिवृत्त जाले.फील्ड मार्शल के.एम. करिअप्पा हे भारताच्या लष्करी इतिहासातले एक अग्रगण्य व्यक्तिमत्त्व जाणी  सेवा, शिस्त आनी देशभक्ती आनी देशभक्तीच्या चिरस्थायी दायजाची बुन्याद घाली  हो दीस देशभरांतल्या राज्यांनी आनी केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या चवतीस  राज्य सैनीक मंडळां आनी भारतांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी चारशेचवतीस  जिल्लो सैनीक मंडळां वरवी  मनयतले.

रुबिओ

परराश्ट्र मंत्री एस जयशंकर हांणी काल अमेरिकेचे विदेश सचीव मार्को रुबियो हांचे कडेन दूरध्वनीचेर  संवाद सादलो. वेपार, महत्वपूर्ण खनिजां, अणुऊर्जा आनी संरक्षण ह्या मळार सहकार्याचेर भर दिलो.  रुबियो हांचे कडेन बरी संचर्चा जालया  अशें परराश्ट्र मंत्री डॉक्टर एस जयशंकर हांणी सांगलें.

**WPL**

**बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत काल रातीं नवी मुंबयच्या डॉ डी वाय पाटील स्पोर्ट्स अ‍ॅकॅडमींत मुंबय इंडियन्सान गुजरात जायंटस हांकां सात विकेटींनी हारयले. गुजरात जायंटांनी थारायिल्ल्या एकशेTRYANNAV धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाग करतना मुंबय इंडियन्सान 4 बॉल उरिल्ले आसतना 3 विकेटी हारून निमणे जैत मेळयले. मुंबय इंडियन्साच्या हरमनप्रीत कौर हाणें त्रेचाळीस बॉलांनी अ/पराजित ekyattr धांवड्यो काडल्यो . तशेंच अमन/जोत कौरान 40 धांवड्यो जाल्यार निकोला कॅरीन आठतीस धांवड्यो काडून अ/पराजित उरली. गुजरात जायंटां खातीर रेणुका सिंग ठाकुर, काशवी गौतम आनी सोफी डिव्हायन हांणी दरेकी एक विकेट घेतली.**

**ताचे आदीं मुंबय इंडियन्सान टॉस जिखून बॉलिंग करपाचो पर्याय वेंचलो . पयली बॅटींग करून गुजरात जायंटांनी 20 शटकानी 5 गडे वगडावन एकशेbyannv धांवड्यो काडल्यो . गुजरात जायंटस खातीर जॉर्जिया wareham हिने अपराजित त्रेचाळीस धांवड्यो काडल्यो जाल्यार भारती फुलमाली छत्तीस धांवड्यो करून अपराजित उरली. मुंबय इंडियन्साच्या पंगडा खातीर अमेलिया कर, निकोला कॅरी, शबनीम इस्मायल आनी हेली मॅथ्यूज हांणी दरेकीं एक विकेट घेतली. हरमनप्रीत कौराक प्लेयर ऑफ द मॅच म्हूण जाहीर केली.**

**ODI**

**दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं तीन खेळा मालिकेंत दुसरो एका दिसाचो खेळ आयज राजकोटांतल्या निरंजन शाह स्टेडियमाचेर दनपारां देडाक सुरू जातलो .**

**वडोदरा हांगा जाल्ल्या पयल्या खेळात चार विकेटींनी जैत मेळयल्ल्यान भारतीय पंगडान मालिकेंत 1-शून्यची आघाडी घेतल्या . हे मालिकेची तिसरी आनी निमाणी मॅच आयतारा इंदौरांत जातली.**

**वेदर**

**भारतीय हवामान खात्यान दिल्ली, हरियाणा, पंजाब, चंडीगढ आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात  दाट ते सामके दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. बिहार, उदेंत उत्तर प्रदेश, हिमाचल  प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित-बाल्तिस्तान  आनी मुजफ्फराबाद हांचेर दाट धुकें पडटलें अशें सांगलां. अशीच परिस्थिती ओडिशा, उत्तराखंड, आसाम  आनी मेघालयात उरतली. हवामान खात्यान झारखंड आनी राजस्थानातय थंड ल्हारांचोय अदमास काडला.**

**आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो**

- **राष्ट्रकुलाच्या सभापती आनी पीठासीन अधिकाऱ्यांची २८वी परिषद (CSPOC) आज नवी दिल्लीत सुरू जाता**
- **फ्रान्सचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे राजनयिक सल्लागार इमान्युएल बोन हांणी काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीची भेट घेतली**
- **आयज कापणीचो उत्सव म्हळ्यार मकर संक्रांती देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी मनयतात**
- **बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत काल रातीं मुंबय इंडियन्सान गुजरात जायंटस हांकां सात विकेटींनी हारयले**